**7 ऑगस्टाक  राष्ट्रीय हातमाग दीस**

ता. **5** ऑगस्ट **2023**

हस्तकला, लुगट आनी कॉयर खात्यावतीन **7** ऑगस्ट **2023** दिसा संस्कृती भवन, पाटो-पणजी हांगा आयोजीत कार्यक्रमात राष्ट्रीय हातमाग दीस मनोवपात येतलो. कार्यक्रमाचे उक्तावण हस्तकला, लुगट आनी कॉयर खात्याचे मंत्री श्री रवी नाईक हांच्या हस्तुकीं जातले.

हातमाग उद्देगाचे म्हत्त्व आनी देशाच्या समाजीक-आर्थिक विकासात ताचे योगदान हे विशीं जागरूकताय निर्माण करपा खातीर दर वर्सा ७ ऑगस्ट हो दीस 'राष्ट्रीय हातमाग दीस' म्हणून मनयतात. हातमाग उद्देगांक प्रोत्साहन दिवप, विणकारांची येणावळ वाडोवप आनी तांच्या कामाचो अभिमान वाडोवप हो ह्या उपक्रमाचो मुख्य उद्देश आसा.

कार्यक्रमात विणकाम अभ्यासक्रमाचे प्रशिक्षण पूर्ण केल्ल्या वेवसायिक शाखेतल्या (फॅशन डिझाइन आनी मार्किंग) विद्यार्थ्यांक प्रमाणपत्रांचे वितरण करतले. तशेंच हातमाग विणकामाच्या प्रोत्साहना खातीर आशिल्ल्या येवजणांचेर चर्चा जातली आनी गरजू कारागिरांक मार्गदर्शन करपात येतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/599

--

---------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.